पणजी प्रादेशिक

०३.११.२०२६ 7.20 pm

- उदकाचो उणाव गोंयात जावचो ना अशे उदकास्तोत्र मंत्री सुभाश शिरोडकार हांणी म्हणला
- मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी मंगळरुत आयोजीत पयल्या संवसारीक कोंकणी संगीत महासंमेलनाचे कार्यावळीत आयज वाटो घेतलो
- गोंयांत मेळपी रेंट-अ-कार आनी रेंट-अ-बाईक गाडयो भाड्यान घेवपी गिरायकांची म्हायती नोंदवंक आनी तांच्या कागदपत्रांची तपासणी करपाखातीर गोंय पुलीस एक नवो डिजिटल प्लॅटफॉर्म तयार करतले
- वर्सभर पर्यटकांक आकर्शीत करप आनी थळाव्या वेवसायांक आनी समाजां खातीर संदी निर्माण करपाच्या राज्याच्या धोरणाचो एक महत्त्वाचा भाग 'खेळ पर्यटन' आसा अशें गोंयचे पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हाणी म्हणला
- कोंकण, गोंयात आयज गडगड आनी विजांच्या कडकडाटासयत वादळी पावसाचो आणि नेटाच्या वाऱ्यांचो अदमास दिवन हळदुवी शिटकावणी हवामान खात्यान दिल्या.

Rashmi 50

August 2027 मेरेन गोंयात उदकाचो मुबलक साठो आसा. गोंयात शेतकी आनी उद्देगीक मळाक वापरपा खातीर फावो तीतले उदक आसा. हे शिवाय उदकाची पातळीची देखरेख करपी समीती सरकारान नेमल्या.उदकाचो उणाव गोंयात जावचो ना अशे उदकास्तोत्र मंत्री सुभाश शिरोडकार हांणी म्हणला. अंदु पावस उणो पडला ,हे फांटभुयेर उदकाचो उणाव जाव येता कांय हया प्रस्नाक जाप दीतना मंत्री शिरोडकर उलयताले.

Rashmi 120

मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी मंगळरुत आयोजीत पयल्या संवसारीक कोंकणी संगीत महासंमेलनाचे कार्यावळीत आयज वाटो घेतलो. हया संमेलनांत मांड सोभाण हया संस्थेच्या ४० वर्सांच्या प्रवासाचो आनी कोंकणी भाशेच्या समृद्ध सांस्कृतिक वारशाचो उत्सव मनयलो. मुखेलमंत्र्यांनी मांड सोभाण, संस्थेचे अध्यक्ष लुई जे. पिंटो, डॉ. रोनाल्ड कोलासो आनी हया इतिहासिक सुवाळ्याचे आयोजन करपी पुराय समितीचें अभिनंदन केलें.

हया उपक्रमांत गोंयातल्यान ५३ पगड वांटेकार जाल्याची माहिती मुखेमंत्र्यांनी दिली. हया उपक्रमांत ३०० पगडा मधल्यान सुमार 7 हजार गायक वांटेकार जाले आनी तांणी ४,५०० परस चड कोंकणी गीतां सादर केलीं. सेगीत १२ दीस, १२ वरां आनी १२ मिनिटांच्या गायनाच्या हया मॅरेथॉनांतून गिनीज वर्ल्ड रेकॉर्ड प्रस्थापित करपाचो प्रयत्न केला.गोंय आनी कर्नाटक हांचेमदीं खोल सांस्कृतिक नातें आसा. कोंकणी भास ही समाज, परंपरा आनी पिळग्यांक जोडपी एक सामायिक दुवो आसा, अशें मुखेलमंत्र्यांनी सांगलें.

Subhash 120

गोंयांत मेळपी रेंट-अ-कार आनी रेंट-अ-बाईक गाडयो भाड्यान घेवपी गिरायकांची म्हायती नोंदवंक आनी तांच्या कागदपत्रांची तपासणी करपाखातीर गोंय पुलीस एक नवो डिजिटल प्लॅटफॉर्म तयार करतले. येरादारी खात्याच्या परवान्यांच्या अटींक धरून हो प्लॅटफॉर्म तयार करपाचो प्रस्ताव पोलीसांनी मांडला.गोंयचे पोलीस महासंचालक आलोक कुमार हांच्या अध्यक्षतेखाला सोमारा पुलीस, येरादारी खातें आनी रेंट-अ-कार/बाईक वेवसायिकांची एक म्हत्वाची बसका जाली. तीनूय घटकांमदीं योग्य समन्वय सादपाच्या उद्देशान ही बसका आयोजीत केल्ली. डीजीपी आलोक कुमार हांणी मांडिल्ल्या हया डिजिटल प्लॅटफॉर्मच्या प्रस्तावाक वेवसायिकांनी मान्यताय दिली आनी गिरायकांच्या कागदपत्रांची सत्यताय तपासपाक हो प्लॅटफॉर्म वापरपाची तयारी दाखयली.

हया वेळार खाजगी वाहनांचो बेकायदेशीर रितीन भाड्यान वापर करपाच्या मुद्द्याचेरय भासाभास जाली. असल्या बेकायदेशीर वेव्हारांचेर खर कारवाय करपाचें आश्वासन पुलीसांनी दिलें. भोंवडेकारां कडल्यान सगळी म्हायती आनी कागदपत्रांची नेमांप्रमाण नोंद दवरप, भोंवडेकारांकडेन नमळायेन वागोवप, तशेंच सगळ्या भाड्याच्या वाहनांनी जीपीएस यंत्रणा बसोवपाचे निर्देश पुलीसांनी वेवसायिकांक दिले.

एनरजी 90

भारतान भूगर्भीय ऊर्जेच्या संशोधनात एक महत्त्वपूर्ण पावंडो गाठला आनी पृथ्वीच्या सैमिक उष्णतेचो वापर करून स्वच्छ वीज निर्मिती करपाच्यो नवीन शक्यताय उक्त्यो केल्यात. जुलै २०२६ त लडाखच्या पुगा दॅंगणात देशातल्यो पयल्यो दोन भूगर्भीय बांय प्रकल्प कार्यान्वित जाले. दर्या सपाटीपासून १४,००० फुटांपरस चड उंचायेर आशिल्यो हयो बांयो 'ओएनजीसी एनर्जी सेंटर'वरवी १,००० मीटर खोलाये मेरेन खणल्यात. हयो बांयो भूगर्भीय ऊर्जा साठ्याचे मूल्यमापन करपाक मदत करतली आणि भारताच्या

प्रस्तावित १-मेगावॅट क्षमतेच्या प्रात्यक्षिक भूगर्भीय ऊर्जा प्रकल्पा खातीर मार्ग मेकळो करतली. ही घडामोड भूगर्भीय ऊर्जेचो वापर करून, २४ वरां उपलब्ध आसपी एक विश्वासार्ह आणि अक्षय वीज स्रोत मेळोवपाच्या दिशेन घाल्ले एक महत्त्वाचे पावल आसा.

Mahesh160

गोंय आतां फकत दर्यादेग आनी आराम करपी सुटयेची सुवाते परस फुडें वचून खेळां सर्तीं खातीर आंतरराष्ट्रीय केंद्र म्हूण स्वताची उदरगत करपाचो यत्न करता. हाचे वरवीं राज्य सरकार संवसारभरांतले खेळगडे आनी खेळां मोगी आकर्शीत करपाचे दिकेन वावुरता.पर्यटनाच्या व्याप्तींत विविधताय हाडप, वर्सभर पर्यटकांक आकर्शीत करप आनी थळाव्या वेवसायांक आनी समाजां खातीर संदी निर्माण करपाच्या राज्याच्या धोरणाचो एक महत्त्वाचा भाग 'खेळ पर्यटन' आसा अशें गोंयचे पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हाणी सांगले. पर्यटन पर्याया मदी विविधताय हाडपाक आनी वर्सभर विविध अणभव दिवपी सुवात म्हणून गोयाक प्रस्थापित करपाक 'खेळां पर्यटन' हें एक म्हत्वाचें घटक अशें तांणी सांगलें.आंतरराष्ट्रीय खेळां कार्यावळी घडोवन हाडल्यार पर्यटकांचे नवे पंगड आकर्शीत जातले, पर्यटक रावपाचे वाडटले आनी पारंपारीक सुटयेच्या हंगामा व्यतिरिक्त पर्यटनाक चालना मेळटली अशे ताणी सांगले.हालींच मीरामार हांगा जाल्ल्या आयरनमन 70.3 गोंवाच्या सव्या आवृत्तींत गोंयच्या 150 वयर सर्तकांचो आस्पाव 2019 वर्सा पयले आवृत्ती सावन आंतरराष्ट्रीय खेळां माचयेचेर गोंयाक स्थान दिवपाक मजत जाल्या तशेंच राज्यांत 30 ऑक्टोबर ते 1 नोव्हेंबर मेरेन गोवा 7एस आंतरराष्ट्रीय रग्बी महोत्सवाची तिसरी आवृत्ती घडोवन हाडली अशे ताणी सांगले

Mahesh 150

2027 वर्साचे विधानसभा वेंचणुके आदीं अनुसुचीत जमातीं खातीर राजकी आरक्षणाची वाट मेकळी करपा खातीर गोंय सरकार हया सप्तकांत सर्वोच्च न्यायालयांत वचपाचें आसा. आदिवासी लोकसंख्या थारावपाची प्रक्रिया स्थगीत केल्ल्या मुंबय उच्च न्यायालयाच्या आदेशाक सरकार आव्हान दितलें अशें अधिकाऱ्यांनी सांगलें. उच्च न्यायालयाच्या पणजी खंडपिठान फाटल्या सप्तकांत अनुसुचीत जमातींच्या लोकसंख्येचो अदमास जाहीर करपाक जनगणना आयुक्ताक आळाबंद हाडिल्लो. 2026 उपरांत जावपी पयली अधिकृत जनगणना सोडून हेर खंयच्याच आदाराचेर हो आंकडो थारावंक मेळना अशें न्यायालयान निरिक्षण केलां. उच्च न्यायालयाच्या आदेशाक

लागून विधानसभा मतदारसंघांत आरक्षण रखडपाची शक्यताय आशिल्ल्यान गोंयच्या फुडाऱ्यांचें शिश्टमंडळ जातून विधानसभा अध्यक्ष गणेश गांवकार, कला आनी संस्कृती मंत्री रमेश तवडकर आनी नरेंद्र सावईकार हांचो आस्पाव आशिल्लो सोमारा बेगोबेग राष्ट्रीय राजधानींत पावले. गोंयचे प्रवासी भारतीय आयुक्त नरेंद्र सावाईकार हांणी सांगले कि सरकार या स्थगिती आदेशाक रद्द करण्याची विनवणी करतलो आणि बुधवार मेरेन सर्वोच्च न्यायालयात 'विशेष अनुमती याचिका' (Special Leave Petition - SLP) दाखल करपाचो यत्न करतलें..न्यायाधीश वाल्मीकी मेनेझेस आनी अमित एस जामसांडेकर हांच्या खंडपीठान अंतरीम स्थगितीचो आदेश संमत केला.

DIP 80

समाज कल्याण आनी समाज उदरगती खातीर एनजीओनी केल्ल्या अमूल्य योगदानाची दखल घेवन गोंय सरकाराच्या समाज कल्याण संचालनालयान 'गोमंतक सेवा गौरव पुरस्कार' आयोजीत केलो.समाजीक कल्याण आनी समाज उदरगती खातीर केल्ल्या उत्कृश्ट योगदाना खातीर वट्ट 36 एनजीओचो भोवमान केलो. तशेंच पयलेच खेपे राज्य पांवड्यावेल्या पुरस्कार सुवाळ्यांत 'अटल आसरा पोर्टल'चें उक्तावण मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी केलें. एनजीओच्या निस्वार्थी योगदानाची तोखणाय करतना मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी सांगलें, ह्या संघटनांनी आपल्या समर्पण आनी करुणे वरवीं लोकांच्या जिवितांत अर्थपूर्ण बदल घडोवन हाडला, आनी हें काम चड करून मर्यादीत सरकारी अर्थीक आदारान केलां.

स्पोर्ट्स 50

आयएसएसएफ जागतिक नेमबाजी चॅम्पियनशिप २०२६ आज कतारातल्या दोहा हांगा सुरू जाता. दोन वेळची ऑलिम्पिक पदक विजेती मनू भाकर या स्पर्धेचे फुडारपण करतली . ही चॅम्पियनशिप नेमबाजी खातीर LA28 चक्रातली सगळ्यात व्हड पात्रता संध आसा. मनू भाकर बायलांच्या १० मीटर एअर पिस्तूल आणि २५ मीटर पिस्तूल या दोन्ही प्रकारांत वाटेकार जातली

वेदर 60

'मुरासू' हें एक खर चक्रीवादळ दक्षिण आंध्र प्रदेशाचे दर्यादेगेर, नेल्लोर आनी नरसपूर हांचेमदीं, ओंगोले लागसार धडकलां. भारतिय हवामान खात्यान दिल्ले म्हायती प्रमाण छत्तीसगढ, ओडिशा, दक्षिण आंतराळ कर्नाटक, दर्यादेग कर्नाटक, केरळ, माहे,

तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल कोंकण, गोंय, मध्य महाराष्ट्र, लक्षद्वीप, मध्य प्रदेश आनी विदर्भ हांगाय आयज गडगड आनी विजांच्या कडकडाटासयत वादळी पावसाचो आणि नेटाच्या वाऱ्यांचो अदमास दिवन हळदुवी शिटकावणी हवामान खात्यान दिल्या.